# LATITUDE


## ANNUAL RESEARCH JOURNAL

Volume : 9 Isssue : I Special Issue, April 2022 ISSN 2395-2520


# सक्षम समिक्षा : सरस्वती सन्मान प्राप्त साहित्य-साधकाची


Editor

**Prof. Soniya Sirsat**

Professor & Head,
Department of Hindi
Government college of Arts, Science and Commerce,
Sanquelim, Goa

Guest Editor

**Dr. Hanumant C. Chopdekar**

Associate Professor & Head,
Department of Konkani
Goa University



**GOVERNMENT COLLEGE OF ARTS, SCIENCE & COMMERCE**
**SANQUELIM, GOA**

Affiliated to the Goa University
AND
Recognised by the University Grants Commission (U.G.C.)
Under section 2f & 12B of UGC Act of 1956
Accredited by NAAC with 'A' Grade with a CGPA of 3.17/4.00

**LATITUDE** is the official research journal published annually by the Government College of Arts, Science & Commerce, Sanquelim, Goa

**ISSN 2395-2520**

**Editorial Board :**

**Editor** : Dr. Soniya Sirsat, Professor and Head, Department of Hindi
Government College of Arts, Science & Commerce, Sanquelim, Goa
9423316038 (M), E-mail : dr.soniyasirsat@gmail.com

**Members** : 1) Dr. Sneha Prabhu Mahambre, Associate Professor and Head, Department of Marathi
Government College of Arts, Science & Commerce, Sanquelim, Goa

2) Dr. Rajesh Parvatkar, Assistant Professor, Department of Chemistry
Government College of Arts, Science & Commerce, Sanquelim, Goa

3) Dr. Suphala Pujari, Assistant Professor, Department of Zoology
Government College of Arts, Science & Commerce, Sanquelim, Goa

4) Dr. Guruprasad Naik, Assistant Professor, Department of Economics
Government College of Arts, Science & Commerce, Sanquelim, Goa

**Guest Editor :** Dr. Hanumant C. Chopdekar, Associate Professor,
Head, Department of Konkani, Goa University, Taleigao, Goa

**Publisher :** Dr. Gervasio S. F. L. Mendes, Professor and Principal,
Government College of Arts, Science & Commerce, Sanquelim, Goa
www.gcascs.ac.in E-mail : gcascs@gmail.com

© Principal, Government College of Arts, Science & Commerce, Sanquelim, Goa reserves all rights.
No portion of the research articles from this special issue of the research journal 'Latitude April 2022' shall be reproduced, stored, transmitted or disseminated in any form without the prior written permission from the Publisher.

**Disclaimer :** The statements made in or opinions expressed in the published research articles are exclusively those of the contributors and do not necessarily express views either of the editorial board or of college authorities.

**Cover design :** Dr. H. C. Chopdekar

**Printed at :** Ra Printers, Panaji, Goa
Rama Harmalkar 9326102225

# मांडावळ


| | | |
|---|---|---|
| 1. महाबळेश्वर सैल हांच्या साहित्यांतली बायल मनशेची मनसंवेदना | – डॉ. जयंती नायक | 15 |
| 2. महाबळेश्वर सैल हांचे 'अरण्यकांड' नवलिकेचें भाशीक विश्लेशण | – डॉ. भूषण भावे | 25 |
| 3. 'काळी गंगा' कादंबरींतलें प्रतिकात्मक आंग | – डॉ. राजय पवार | 35 |
| 4. महाबळेश्वर सैल हांचे जिवन अणभव आनी कथनात्मक साहित्य निर्मिती | – डॉ. प्रकाश पर्येकार | 41 |
| 5. 'सरस्वती सन्मान प्राप्त 'हावठण' कादंबरींलो समाजमानस आनी मिथकां' | – डॉ. हनुमंत चोपडेकार | 54 |
| 6. 'अग्रदूत' : रामायणाचेर नवी नदर दिवपी कादंबरी | – डॉ. पूर्णानंद च्यारी | 62 |
| 7. महाबळेश्वर सैल हांचे साहित्यसाधने फाटले प्रेरणास्रोत्र : एक सोद | – राजश्री सैल | 69 |
| 8. 'निमाणो अश्वत्थामो' : मनीस आनी सैमाचो सांगोड घालपी कथा झेलो | – डॉ. कॉज्मा फेर्नांडीस | 75 |
| 9. महाबळेश्वर सैल हांचो पयलो कथा झेलो 'पलतडचें तारूं' : एक चिकित्सक मुल्यांकन | – अंजू साखरदांडे | 83 |
| 10. सैलांचो साहित्य अकदेमी पुरस्कार जैतिवंक कथाझेलो 'तरंगां' : एक समाजीक विश्लेशण | – डॉ. राखी आमोणकार | 88 |
| 11. 'अरण्यकांड' नवलिकेंतलो गरिबी आनी परिस्थितीकडलो मनीसजातीचो आंतरीक संघर्श | – नरेश चंद्रकांत नायक | 94 |
| 12. महाबळेश्वर सैल हांच्या कादंबरेंतली भासः समानतायो आनी विशेशतायो | – प्रियांका सिताराम परब | 100 |
| 13. महाबळेश्वर सैल हांच्या कथेंतलो समाज, संस्कृताय आनी संघर्श | – फा. लुईस गॉमीश | 108 |
| 14. महाबळेश्वर सैलांच्या मराठींत अणकारीत साहित्याचो पोस्टमॉर्टम | – डॉ. प्राची जोशी | 116 |
| 15. कोंकणी सिनेमांत पटकथेचो विकास – 'पलतडचो मनीस' फिल्माच्या संदर्भांतल्यान | – गोरक शिरसाट | 123 |
| 16. महाबळेश्वर सैल हांच्या कादंबऱ्यांतलो समाजीक संघर्श : 'हावठण' आनी 'काळी गंगा' कादंबऱ्यांच्या संदर्भांत | – ग्लिनीस डायस | 128 |
| 17. महाबळेश्वर सैल हांच्या 'विखार विळखो' कादंबरेंतली अस्तुरी | – शुभा बरड | 135 |
| 18. 'हावठण' आनी 'The Kiln' – इंग्लीश अणकाराच्या संदर्भांत परिचर्चा | – रमा मुरकुंडे | 143 |
| 19. 'काळी गंगा' कादंबरेंल्या वातावरण निर्मितीचो चिकित्सक अभ्यास | – दिपराज सातार्डेकार | 149 |

# महाबळेश्वर सैल हांचे जिवन अणभव आनी कथनात्मक साहित्य निर्मिती

**डॉ. प्रकाश पर्येंकार**
सहयोगी प्राध्यापक,
कोंकणी विभाग, गोंय विद्यापीठ, ताळगांव गोंय
prakash@unigoa.ac.in

**सारांश :**

अणभवसंपन्न लेखक सदांच उच्च दर्ज्याची साहित्य निर्मिती करता. अभिजात साहित्य निर्मिती फाटलें हें एक म्हत्वाचें कारण आसा. जे लेखक कश्टले. तन्मयतेन वावुरले. क्षणीक सुखा पासून पयस रावले. मानवाचे सेवे खातीर झटले. अन्याय आनी अत्याचार आड जांच्यानी आवाज काडलो. जिव आनी वनसंपत्तेच्या संवर्धना खातीर जे वावुरले. अश्या लेखकांनी आपले अणभव, चिंतन, आपले हावेस, आपल्यो इत्सा, फुडाराचीं चिंतनां आनी हुस्के लिखीत साहित्यांत मांडले. जिवन प्रवासांत आपल्याक आयिल्ल्या बऱ्या वायट अणभवांची कलात्मक मांडणी साहित्यांत जाता. निजी, रासवळ आनी जाणिवपुर्वक घेतिल्ले अणभव हें लेखकाचें खरें धन आसता.

**सारभूत उतरां :**

अणभव, अनुभुती, चिंतनां, साहित्य निर्मिती, लेखकाची धारणा, जिवन साधना, आत्मप्रकटीकरण, कल्पक मांडणी, अभिव्यक्ती, कृशिजिवन, स्थळवर्णना.

**प्रस्तावना :**

कोंकणी साहित्याच्या मळार साबार लेखक कथनात्मक साहित्याची निर्मिती करतात. हे सर्जनात्मक निर्मिती खारीत अणभव आनी अनुभुतीची गरज लागता.

लेखक तत्कालीन समाजेवस्थेचो एक भाग आसता. अणभव संकलना फाटलो तोच ताचो मुळावो उर्जा स्त्रोत आसता. लेखकान आपल्या भुरगे पिराये साकून जे अणभव ताच्या वाट्याक आयल्यात वा कश्टान जोडल्यात तांची कलात्मक मांडणी तो आपल्या साहित्य रचनेत करता.

एका विशिश्ट कुटूंबवेवस्थेंत लेखक ल्हानाचो व्हड जाल्लो आसता. ताचेर बरे वायट संस्कार जाल्ले आसतात. मुखार शिक्षण, नोकरी आनी उद्देग धंद्यांक लागून एक अणभवसंपन्न जिवन ताच्या वाट्याक आयिल्लें आसता. सामाजीक चळवळी, लोकसंस्कृतीक दायज, अर्थीक वेवस्था, राजकीय घडामोडी, राष्ट्रीय आनी संवसारीक पांवड्यार घडून गेल्ल्यो चर्चात्मक घटणा. विवीध मळांचेर तांच्यानी लेखकान केल्लें कर्तृत्व, जिवन साधने वरवीं जोडिल्ले विचारांच्या आदारान लेखक साहित्याची सेवा करता.

जायते फावट साहित्यकृती ही लेखकाच्या अणभवविश्वांची प्रतिकृती आसता. ते साहित्य रचनेत जिवन साधनेचो परिपाक प्रतीत जाल्लो आसाता. तें एके तरेचें आत्मप्रकटीकरण आसता. लेखक कळत नकळत आपल्या आचार आनी विचारांक साहित्यांतल्यान अभिव्यक्त करीत आसता. आपलीं चिंतना, आपले हावेस, आपल्यो अडी अडचणी, आपलो जिवनसंघर्श, आपल्यो सहवेदना आनी आपलें सहजीवन तो साहित्य पटलाचेर मांडटा. आपूण स्वता प्रथम वा व्दितीय पुरूश निवेदक जावन हें सगळें कथन करता. साहित्यांत उब्यो केल्ल्या व्यक्तिरेखांक तो माध्यम करता आनी आपल्या मनांतली सुप्त इत्सा अभिव्यक्त करता.

महाबळेश्वर सैल हे कोंकणी साहित्यीक वर्स 1982 साकून सातत्यान कोंकणी कथनात्मक लेखन करतात. 'पलतडचें तारूं' (1989), 'तरंगां' (1991), 'बायनेच फायटींग' (2005), 'निमणो अश्वत्थमो' (2009), 'दोन मुळांचें झाड' (2011) हे कथा संग्रह जाल्यार 'काळी गंगा' (1996), 'युग-सांवार' (2004), 'खोल खोल मुळां' (2005), 'हांवठण' (2009), 'विखार विळखो' (2016), 'माती आनी मळब' (2017), 'अग्रदूत' (0000) तशेंच 'अदृश्ट आनी अरण्यकांड' (1997), अश्यो कादंबरी आनी नवलीका तांच्यानी रचल्यात. कोंकणी भाशेंत कथा आनी कादंबरी लेखन करपी ह्या जेश्ट लेखकाचें साहित्य इंग्लिश, मराठी, हिन्दी, मलयाळम, कन्नड आनी हेर भाशानी अणकारीत जालां. कोंकणी भाशेंत कथा आनी कादंबी लेखन करपी एक जेश्ट भारतीय लेखक म्हण ते परीचीत आसात.

ह्या लेखकान कथनात्मक साहित्याची निर्मिती करताना आपल्या अणभवविश्वाचो कसो तरेन योग्य आनी कलात्मक वापर केला ताचें हांगां देखी दिवन विश्लेशण केलां. हें करताना आपले हावेस, सुप्त इत्सा आनी फुडाराचो हुस्को प्रतीत जाल्लो आसता. ह्या सोद निबंदांतल्यान लेखकाच्या जिवन साधनेची आनी जिवन संघर्शाचीं विवीध रुपां अभ्यासकांक आनी अभ्यासू वाचकाक कळपाक आदार जातलो.

**महाबळेश्वर सैल हांची जिवनसाधना :**

एका ध्येयान जगपी आनी ध्येयपुर्ती खातीर अमुलाग्र यत्न करपी व्यक्तीच्या जिवनाक अनेक

अणभवाचे पदर आसतात. जितली जीण कश्टाळू तितली त्या अणभवांक खरसाण चड. ही अपुर्व जोड कोंकणी लेखक महाबळेश्वर सैल हांकां फाव जाल्या. जिवन प्रवासांतली खडतर वाट चलतना तांच्यानी सुखा पसर दुख्ख, निर्शेणी आनी संघर्शाच्या उज्या आगट्यांनी तांका सांगांत चड केला. पूण जिवनात सकारात्मक दृश्टीकोण दवरून ते जगिल्ल्यान तांच्या जिवनाक अधीक धिटाय फाव जाल्या.

सैल हांचो जल्म शेतकार कुटुंबांत जाल्ल्यान तांच्या जिवनाक कश्टाची जोड फाव जाल्या. तत्कालीन समाजवेवस्था आनी अर्थीक प्रस्नाक लागून भारतीय सैन्यात जाल्ली भरती तांच्या जिवनाक वेगळें आयाम दिवन गेली. मुखार येल्लापुर कर्नाटकांतल्या रानांत सुपरव्हायजर म्हूण केल्ली तत्पुर्ती नोकरी, गोंयांत गोवा पुलीशेंत जाल्ली भरती आनी मुखार टपाल खात्यांत पोस्ट मास्टर म्हण दिल्ले सेवेन तांच्या जिवनाक अर्थीक थकाय मेळोवन दिली. हें सगळें करतना कोंकणी साहित्य निर्मितीतलें तांचें कर्तृत्व नदरे आड करून जावंचेंना. साहित्याची ही तांची साधना तांच्या पुराय जिविताची फलशृती थारली. साहित्य अकादेमी पुरस्कार, विमला पै पुरस्कार, सरस्वती सन्मान आनी हेर पुरस्कार ताची गवाय दिता.

### महाबळेश्वर सैल हांचें जिवन अणभव आनी कथनात्मक लेखन

महाबळेश्वर सैल हांच्यो कादंबऱ्यो विवीध सामाजीक वर्गांतल्या लोकसमुहाचें चित्रण करता. चित्रीत वाठार, त्या विशिश्ट समाजाचें समाजमानसशास्त्र आनी भाशीक गिरेस्तकाय लेखक आपल्या कादंबऱ्यांनी केळयता. हे खातीर लागता ती खर निरिक्षण शक्त. अणभव घेवन ते संग्रही दवरपाची कळाशी. जिवसृश्टेचेर आशिल्लो अपार प्रेम आनी शाश्वत मुल्ल्यांचो ध्यास लेखकाक मजबूत करता.

जिवन अणभव जितले खर आसतात तितलें लेखकाचे लिखणेक वास्तव स्वरूप प्राप्त जाता. गरिबी, काबाडकश्ट, अन्याय, अत्याचार, शोशण अशी विशिश्ट फाटभूंय आशिल्ली जीण लेखकांच्या वांट्याक आयिल्ली आसल्यार ती ताची खरी संप्पती थारता. संघर्शमय जिवन जगतना वास्तव परिस्थिती आनी तत्कालीन समाजवेवस्था लेखकाक घडयता. जायत्या कोडू अणभवांक समर्थपणान तोंड दितकच त्या अणभवांची गिरेस्तकाय आनीक वाडटा. असले हे अणभवूच लेखकाची लेखणी सशक्त करतात.

घरची गरिबी, पारंपारीक शेतीवेवसाय, फौजेतलें जिवार बेतपी जिवन, गोवा पुलीसेंत आनी पोस्ट खात्यांत नोकरेच्या वेळार वांट्याक आयिल्ले असंख्य बरे-वायट अणभव, तशेंच कुटुंबीक जिणेंत आयिल्ले वयक्तीक आनी रासवळ अणभव लेखक महाबळेश्वर सैल हांच्या लेखनाचे विशय जाल्यात. हातूंतले कांय विशय कथानकाचो मुलस्त्रोत जाला. घटना आनी प्रसंगाचो वांटो जाला. एकाद्या पात्राच्या रुपांतल्यान लेखक अभिव्यक्त जाला.

### अणभवसंपन्न कृशिजिवन :

सैलाच्या साहित्यनिर्मीतीचो केंद्रबिंदू 'शेत' हो आसा. ताचो प्रत्यय आमकां तांच्या कथनात्मक साहित्यांत येता. शेताचीं विविध आंगां आनी रुपां तातूंत अधोरेखीत जाल्लीं आसात. लेखकाच्या मना-काळजांत वास्तव करून आशिल्लें शेत, शेताची मशागत, शेत संस्कृताये संदर्भांतलीं आस्था आनी तिचेर आशिल्लें अपार प्रेम दिश्टी पडटा. शेतवडी संदर्भांतल्यो स्मृती जाग्यो दवरप आनी जगप हो जिवन साधनेचो एक भाग जातकच ताचें परिवर्तन

साहित्यांत सहज आनी सत्यतायेक धरून जाता.

सैल हे शेतकार कुटुंबांत जल्मले. शेत कसोवपाची दीर्घ परंपरा तांच्या घरवडीक आशिल्ली. तो तांचो पारंपारीक वेवसाय. तांचें पुराय घराणें शेतांत राबलां. शेत आनी गोरवां हांचे मदीं घुंविल्लें तांचें तें जिवन तांणी आपल्या भुरगेपणांत लागींच्यान पळयलां आनी अणभवलां. शेता विशीं ते बरोवपाक लागता तेन्ना तांची लेखणी शेताचे मेरेन वचून उबी रावता. कुणग्यांत देंवून जोत धरता. मेरो घालता. लुंवता आनी मळटा लेगीत. काळी गंगा आनी हावठण ह्या कादंबऱ्यांनी जोताच्या बैलांची जतनाय घेवप, शेतांत जोत बांदप, नांगरणी करप, मेरो घालप, कडो बारीक चांचावन घालप, दिपळो घेवन बारीक मोठे दिपळे बडोवन तांचो पिठो करप, बीं हुंवप, लुवणी करप, मळणी घालप, मुडयो बांदप, तणावळ करप, भात उकडप अशें शेता संदर्भांतलें पारंपारीक शास्त्रीय गिन्यान सैल वाचप्या मुखार दवरता. श्रमसंस्काराचें अमुल्य जिवन ते कलात्मक रितीन शब्दबध्द करतात. अन्नसंस्कृतायेचे सैल उपासक आसात. ते म्हणटात :

'घामाकश्टां परस व्हडली पुजा संवसारांत ना. मातयेच्या मायेपरस व्हडली भक्ती संवसारांत ना. अन्नाच्या दानापरस व्हडलें दान संवसारांत ना. शेतकार हें सगळें पुण्य वांगडाच जोडटा आनी ताच्याठांय सत्य शीव आनी सुंदरकायेचो रुपकार घडटा.' (हारसो आनी कंवच्यो, सुनापरान्त - 28 जानेवारी 1992)

महाबळेश्वर सैल हांचे कृशीसंस्कृताये संदर्भांतलें जीवन अणभव अस्सल आनी मुळावे आसात. कारण ते स्वता जगल्यात. ल्हान पिरायेचेर तांच्यानी स्वता शेतांतलीं कामां केल्यांत. तत्कालीन शेतकार वर्गाचें जिवन तांणी खूब लागींच्यान पळयलां. शिद्दर गांवांतलो गणेश आनी पलतडचो साठीक तेंकिल्लो हुळगा गांवचो म्हाळू हे दोगूय कृशी संस्कृतायेचे प्रणेते. 'काळी गंगा' कादंबरेंत म्हाळूची व्यक्तिरेखा उबी करतना लेखक बरयता :

''मांव खांपो शेतकार आसलो. तो चड शेताचो धनी आसलो म्हण न्हय, तर आशिल्लें शेत तो भोव कश्ट करून नकसूद पिकयतालो. बाराय म्हयने शेतांत घोळ घोळ घोळप. कसतना नांगर उब्बो घालून मुंडोळेमाती वयर काडून घालप. बैल खर्शेताले आनी वयर हो एकेक दिपळो येवन पडटालो. शेतांत एक तणाची काडी आसूंक फावोना. लुंवतना, मळटना भाताचो आंसो भायर पडूंक फावोना. शेतांतलें दादल्यांचें, बायलांचें काम एकल्यानच करप. जोत सोडटकीर हातांत दिपळो घेवन तो फोडूंक लागप. नडचें, नाटचें, नेर, मुगळ काडचें काम एकल्यानच करप. मळटना चाटीर धानाचो पेणो मारल्यार ताट उडटाली आनी खळ हालतालें. माथ्यार वजें घेवंक वाग....'' (काळी गंगा : पान - 102)

शेतकार वर्गा भितर वेळाचें आनी कामाचें वेवस्थापन आसता. तीं कामां शिस्तीन जावचीं म्हूण घालून दिल्ली कार्यपद्दत आसता. अवेळी येवपी अडचणीक मात करपाक तांचें नियोजन आसता. ह्या सेगळ्यांचे बारकावे सैल आपले अनुभुतींतल्यान साहित्यांत मांडटा.

गणेश हो असोच शेतांत राबपी शेतकार. शेतांतल्या कामाविशीं ताका पुराय गिन्यान आशिल्लें. मध्यानरातीर वचून तो शेतांत जोत बांदता. सांवार आयिल्लेवरी जोत आमुडटा. ''पाड पडिल्ल्यांनो कितें शेत कसतात धतरीचे चोटली भोंवडायल्लेवरी. असो उबो नांगर घालून धतरीचें हड्डें फोडूंक जाय. सारकी मुंडळे माती वयर काडूंक जाय. बैलांचे गांडीतल्यान फेण भायर सरूंक जाय. फाल्यां पिकच बरें जालें ना म्हणटले. आदीं हाडां झरयात मगेर

खांडयांनी भात...'' (काळी गंगा : पान–140)

"...शेतगावडो केन्ना शेत पडींग पडूं दिना. आनी तूं पोटण्याचो शेत पडींग पोट्टलें म्हुट्टा. तोंड फोट्टं तुगेलें.'' (खोल खोल मुळां : पान–59) आपली पुराय जीण शेतांत घोळोवपी फरांसीक हाच्या तोंडांतलीं हीं उतरां. जोताचे बैल, गोठो आनी शेत हातूंत तो आपल्याक गुंथून घेता. जोताच्या बैलांची तो लकुबाय करता. आपल्या जिवाच्यान जायना अशें आसतना लेगीत तो बैलांक वजेंभर तण लुंवून हाडून खावपाक घालता. एकाद्या मनशा कडेन उलयिल्ले वरी तो आपल्या बैलां कडेन उलयता.

'शंकराप्पा तर शताचो वावर फाटीं घेवंक तयार नासलो. म्हणटालो, आमच्यो कितल्यो पिळग्यो ह्या शेतांनी घोळ्ळ्यो, शेतां पिकयलीं तेच खावन जेवन गेले. म्हज्या दोळ्यां हुजीर हांव एक कुणगी बंजर पडूंक दिवचों ना.' (विखार विळखो : पान–45)

म्हाळू, गणेश, फरांसीक आनी शकराप्पा ह्या शेतकारांच्या माध्यमांतल्यान लेखक सैल उलयता. कृशीजिणेंतले अणभव कथन करता.

'काळी गंगा', 'युग–सांवार' आनी 'माती आनी मळब' ह्याकादंबऱ्यांनी शेत कसोवपी शेतकार जमीन मालकाक 'गेण' घालता म्हणपाचो संदर्भ आयला. जमीनमालकाचें शेत कसोवपाक घेतिल्लो शेतकार ताचो मोबदलो म्हूण अमुकच एक थारायल्लें धान्य ताका दिता. सैलाचो बापूय मेले उपरांत 'काळी गंगा' कादंबरेंत गांवच्या स्नेहसंमेलनाक जयराम मास्तर 'गेण' ह्या विशयाचेर नाटकुलें सादर करता. आपणाक कशे तरेन गेण घालपाक शक्य ना ती व्यथा शेतकार जमीनदारा मुखार पद्य स्वरुपांत मांडटा. 'भात ना, बीं दी.', 'बीं ना मुडो दी.', 'मुडो ना कोडको दी.', 'गाडगो दी, मडकी दी,', 'गाडगो ना मडकीय ना, रीण काड.' (पान–63–64) शेतकाराच्या मनांतली अभिव्यक्ती स्वता लेखकाची आसा. सैल हांणी स्वता जमीनदाराक 'गेण' घातल्या. जमीनदारा कडल्यान वायट उतरां घेतल्यांत. हें नाटकुलें म्हणल्यार जिणेंत जें भोगलां ताचो हो उद्रेक.

ताचे खातीर एकाद्या पात्राच्या वर्तनांतल्यान वा संवादातल्यान आपणाक सांगपाक जाय तें सैल अभिव्यक्त करता. तें पात्र मागीर जयराम मास्तर आसूं वा खोल खोल मुळां कादंबरेंतलो कालेरीन गांवकार आसूं.

**थळवर्णनां आनी सैमनिरिक्षणां :**

शेजेबाग माजाळेच्यान काळी न्हंय सात कि.मि. अंतराचेर आसा. अशें आसून लेगीत लेखक सैल हाणें 'काळी गंगा' हे कादंबरेंत काळी न्हंयेचें वर्णन इतलें बारीकसाणीन आनी तपशिलान कशें केलां? असो प्रस्न अभ्यासक आनी वाचकांक पडूं येता. सैलान दिल्ले माहिति प्रमाणें भुरगेपणांत सुमित्रा हे हुळगा गांवचे व्हडले भयणीगेर ते रावपाक वयताले. त्या वेळार सैल हांका काळी न्हंयेचे आलतडीं तशेंच पलतडीं येवपा वचपाचे अनेक प्रसंग स्मरणांत आसात. आपल्या व्हडल्या भावोजी वांगडा रातच्या वेळार एकदां व्हड्यांतल्यान पलतडी गेल्ल्याचीय घट याद तांका आसा. ताका लागून न्हंय वळांटून वचपाचे जे प्रसंग कादंबरेंत चित्रीत जाल्यात ते स्वाताचे अणभव आसात.

तशेंच माजाळेच्यान हुळगा वचपाक हुळगाची तार लागताली. हणकोणां आनीक एक तार आशिल्ल्यान तिचोय अणभव सैलाचे गांठीक आशिल्लो. न्हंयेच्यो तडी, न्हंयेचो प्रवाह, भरती–सुकती ह्या संदर्भांतलें वर्णन करपा खातीर तांकां हो अणभव उपेगाक पडलो. हुळगाक भयणीगेर वयतना पुराय वाटभर शेतां, न्हंय, व्हाळ, भाटां, हुळगेचो जुंवो आनी गांव

लागताले. तशेंच भयणीच्या घरा फाटल्यान काळी न्हंय आशिल्ल्यान वेगळ्यावेगळ्या वेळांचेर न्हंयेचीं रुपां सैलान लागींच्यान नियाळिल्लीं. हाकाच लागून सैलान काळी न्हंयेचें केल्लें चित्रण वास्तव रूप घेवन कादंबरेंत येता.

वास्तवतायेक धरून लेखक आपल्या साहित्यांत जिवंत वाठार उबो करता. लेखन करतना अपेक्षीत वाठाराची थळरचना लेखकाचे तकलेंत आकार घेता. सामाजीक वेवस्थेचें भान दवरून त्या परिसराची पुराय माहिती अभ्यासा अंतर्गत संकलीत केल्ली आसता. थळवर्णनां साहित्यांत चित्रायतना शास्त्रीय पद्दतीचो आधार घेवप जाता. अशें केल्ल्यान तीच ताच्या लेखनाची जमेची बाजू थारता.

लेखक आपणें लागींच्यान पळयिल्ल्या आनी अणभविल्ल्या थळांचो आनी सैमरुपांचो उपेग आपल्या लेखनांत करता. हे नदरेन लेखक महाबळेश्वर सैल हांणी आपल्या कथनात्मक साहित्यांत केल्लीं थळवर्णनां आनी सैमनिरिक्षणां वास्तवाक धरून आसात. तत्कालीन लोकजिवना कडेन तीं सुसंगत आसात. साहित्यकृतेंत उल्लेख केल्लीं साबार थळां प्रत्यक्ष पळोवंपाक मेळटात.

'काळी गंगा' कादंबरेंत शेतवड, न्हंय आनी दोंगर ह्या तीन गजालींचें चित्रण समर्पक रितीन लेखकान केलां. लेखक सैल हांचे वांगडा ता. 9 मे 2014 ह्या दिसा शिद्दर गांवाक हांवें भेट दिल्ली. ह्या वेळार हांवें थळाव्या व्यक्तीं कडल्यान त्या परिसराची माहिती करून घेतली. शेतवडीचे मदीं श्री नरसिंह देवाचें देवूळ, उदेंतेक शिद्दराम गुड्डा दोंगर, दक्षीणेक आशिल्ल्या दोंगरार 'केळी तळप' नांवाची सुवात ते वेळार हांवें पळयल्ली.

घोवाक सोडून पळून आयिल्लें सुमती आपलो मोगी सदानंदाक येवन मेळटा तो एक प्रसंग काळी गंगा कादंबरेंत आसा. रातचीं तीं दोगांय जंय रावतात तें नारायणी देवस्थान हळगा ह्या गांवांत आसा. श्री म्हारिमाया देवीची हांगा 'म्हारी जात्रा' जाता. ताच्या तोंडा मुखार आशिल्ले दोंगुल्लेचेर सदानंद खोंप बांदून रावता. 'म्हास्ती जात्रेचो' जो उल्लेख आयला तें म्हास्ती देवस्थान हुळगा ह्या गांवांत आसा. 'घांत्रे फातर' (पान.133/166) म्हणून जाचो उल्लेख आयला तो उदेंत वटेन केरवडी हांगा आशिल्ल्या दोंगरार आसा. जाल्यार 'नासा फातर' हो हळगा हांगां काळी न्हंयेचे तडीर आसा. तशेंच लग्नाच्या लोकांची बोट बुडटा तें थळ वयल्या नासा फातराच्या तोंडा मुखार आसा. सिद्दराम दोंगरा वयल्यान दिसपी ते आंबे जुंवो, खारगे जुंवो हे शिद्दर गांवा मुखार आसून बोट जुंवो हो खारगें आनी शिद्दर हांच्या तोंडा मुखार काळी न्हंयेच्या पात्रांत आसा.

दांडेलीच्या घाटमाथ्यावयल्या रानांत उगम पाविल्ली 'काळी न्हंय' गणेशगुडी, कोडसळी, कद्रा, कडयें, बोळयां, करकल, केरवडी, खारगें, शिद्दर, किन्नर, शेजवाड, बाड असो प्रवास करीत कारवार वाठारांत अरबी समुद्राक येवन मेळटा. सैमरुपी जितें जिवें पात्र जावन काळी गंगा हे कादंबरेंत येता.

झाडां विशीं सैल हांका आशिल्लें आपलेंपण तांच्या साहित्यांत पळोवंक मेळटा. त्या त्या वाठारांतलीं असंख्य रुखावळ ताची रुजवात दिता. काळी गंगा कादंबरेंत साकर आंबो (पान-61), चोंची आंबो (पान-67), कवंजी रूख, पांगऱ्या रूख (पान-74), गुडगुडो आंबो (पान-129), कातले आंबो, सुंबाळो आंबो, कणक (पान-148), कांदळां आनी भेडशेचीं झाडां (पान-158), म्हातार आंबो (पान-243); 'हावठण' कादंबरेंत आमले रूख (पान-1), किरांबो (पान-22), कवंज रूख (पान-24), तोरंगी रूख (पान-65),

रामफळी रूख (पान-86), जाल्यार 'युग-सांवार' हे कादंबरेंत बेलारूख (पा.12), पिंपळ, वड, ओंवळ, भिरण, पंगारो, जांबळ, अटम (पा.21), कडमारूख (पा.29), अर्जुनारूख (पा.30), असण (पा.46), कुकमाआंबो (पा.65), घोडका रूख (पा.94), किंदळ, सांवर, हेद, कणक, भिल्लमाड (पा.78), झरीआंबो (पा.101), रुमडी रूख (पा.109), खैरी रूख (पा.268), कवंजी रूख (पा.398) अश्या असंख्य रुखांचे सामाजीक, संस्कृतीक आनी पर्यावरणीय संदर्भ लावन लेखक तांचें म्हत्व अधोरेखीत करता.

वयर उल्लेख केल्ली साबार रुखावळ सैलाच्या वळखीची आसा. ह्या झाडांकडेन तांचें आपुलकायेचें नातें आसा. ल्हानपणापासून ह्या झाडांक ते पळयत आयल्यात. रुखावळी संदर्भांत तांकां आशिल्ल्या गिन्यानाचो वापर लेखकान लेखन करताना उपेगाक हाडला म्हणपाचें लक्षांत येता.

**अणभव जिणेंतल्यान किल्लून आयिल्ल्यो व्यक्तीरेखा :**

'काळी गंगा' (राजहंस वितरण, पणजी -1996) ही कारवार वाठाराचे फाटभुंयेर बरयल्ली सैला हांची म्हत्वाची कादंबरी. कृशीसंस्कृताय केंद्रस्थानार दवरून तत्कालीन सामाजीक विशयाचेर ही कादंबरी भाश्य करता. गणेश-म्हाळू-मंजूळ-श्रीधर-सुमन-गोविंद-गोकूळ मावशी-आवडू आजी-सुमित्रा-नरशींव आनी हेर पात्रां वांगडा संचार करता. हे कादंबरेंत लेखक सैल हाणी आपली निजी अणभव कळत नकळत पेरल्यात.

सुमन आनी गोविंद मेळून आपाक (गणेश) गोंयांत आल्तिनो पिशांच्या हॉस्पिटलांत दवरपाक व्हरतात. (काळी गंगा : पान-210-220) पुलीस स्टेशन, मामलेदार ऑफीस आनी हॉस्पिटलांत आयिल्ले अणभव हे सैलाचे स्वताचे आसात. एक फावट भयणीचे जावेक घेवन सैल पणजे पिश्यां हॉस्पिटलांत आयिल्ले. "गोंया भायल्या मनशाक हांगच्या मँटल हास्पिटलात घालूंक जायना. तुमी धारवाडाक वचात. थंय तुमचें हॉस्पिटल आसा." अशें म्हणपी तिसवाडी तालुक्यांतलो तत्कालीन मामलेदार ही व्यक्ती कारवार वाठारांतली 'सैल' आडनांवाची आशिल्ली म्हणपाचें लेखक सांगतात. हे वेळार गोविंद पणजेच्या श्री महालक्ष्मी देवळांत न्हिदिल्ल्याचो उल्लेख आसा. हो अणभव स्वता सैलान गोंयांत पुलीस निवड चांचणेच्या वेळार घेतिल्लो. सैल 1967 वर्सा गोवा पुलीस खात्यांत भरती जाल्ले.

प्राथमीक शिकप जाले उपरांत सैल वांगड-माजाळेचे उच्च प्राथमीक शाळेंत यत्ता पांचवे खातीर वयतालो. शाळेंत वचपाक शेतांतल्यान एक आडवाट आशिल्ली. पावसांत थंय उदक भरतालें. वाटेर एक 'मायण व्होळ' लागतालो. सैल थंयच्यान वयतना ताचो तोल गेलो आनी ताचीं सगळीं पुस्तकां ते वेळार व्हाळून गेल्लीं.

वयर उल्लेख केल्लो प्रसंग लेखकान 'काळी गंगा' कादंबरेंतल्या सुमनाच्या जिणे कडेन व्हरून जोडला. सुमन चवथी पास जावन यत्ता पांचवेक वयल्या देवळा कडले कानडी शाळेंत वचपाक लागता. एकदां गोविंद आनी सुमन शाळेक वयतना पुस्तकां घेवन सुमन सांकवावयल्यान सकयल व्हाळांत पडटात. हे वेळार ताचीं पुस्तकां व्हाळून वतात. (काळी गंगा : पान-65) आपले यादींचे गांठींत आशिल्लो भुरगेपणांतलो तो अणभव लेखकान कलात्मक रितीन आपले कादंबरेंत चित्रायला.

'खोल खोल मुळां' हे कादंबरेंत दुमींग नांवाचें

पात्र लेखकान चित्रायलां. मुळांत पाडेली आशिल्लो व्यक्ती माडावयल्यान पडटा आनी ताचो हात दंडा पासून काडचो पडटा. रघुनाथ सैल नांवाचो महाबळेश्वर सैल हांचो काका आशिल्लो. दुर्मींग ही व्यकेतिरेखा रघुनाथ हाचे कडेन मिळटी जुळटी आसा. सैलाचो काकाय अशेच तरेन अपंगूळ जाल्लो आनी शेताभाटांतलीं सगळीं कामां तो फिशालकायेन करतालो.

'हावठण' हे कादंबरेंत लेगीत लेखकान आपले कांय अणभव तशेंच मनातल्यो कांय सुप्त इत्सा कादंबरेंत परिवर्तीत केल्ल्यो आसात. सैलाक आपल्या भुरगेपणांत शाळा सोडपाची नाशिल्ली. पूण गरिबी आनी तत्कालीन सामाजीक परिस्थितीक लागून ताका शिक्षण अर्द्यार सोडचें पडिल्लें. आपणें मुखार शिक्षण कित्याक घेतलें ना? ही खंत मुखार तांच्या मनात सतत सलत आशिल्ली. आपली ही शिकपाची इत्सा पुराय करपाच्या हेतान तांच्यानी एसएससीईची परिक्षा पास केली. आपल्या मनात आशिल्ली अस्वस्थताय अभिव्यक्त करपाक वयले कादंबरेचो तांका आदार घेंवचो पडलो. थंय तांच्यानी सदानंद हें पात्र उबें केलां. हो सदानंद घरांतली मडकी फोडटा आनी उच्च शिक्षणा खातीर पुणें शाराची वाट धरता आनी पदवी मेरेन शिक्षण घेता. लेखक एका अर्थान सदानंद पात्राच्या माध्यमांतल्यान आपलीच शिकपाची सुप्त इत्सा पूर्ण करता हें विशेश.

हेच कादंबरेंत 'सीताय' हें पात्र आसा. हें पात्र लेखकाक हुळगा गांवांत लग्न करून दिल्ले भयणीच्या घरांत तांकां मेळ्ळें. तांच्या घराब्यांत तीन विधवा बायलो आशिल्ल्यो म्हणपाचें लेखक सांगता. त्यो चारित्र्यवान आशिल्ल्यो. अणभवांचें गांठवल आशिल्ल्यो ह्यो बायलो गांवांत अधिकारान उलयताल्यो. लोकय तांकां मान दिताले. 'काळी गंगा' कादंबरेंत 'अंबूमावशी' आनी 'गोकुळमावशी' अशीं विधवा पात्रां अधिकारान उलयतात तीं दिश्टी पडटात. ह्या तांच्या सुक्ष्म निरिक्षणांतल्यान आनी अणभवांतल्यान लेखकान वयल्या पात्रांची निर्मिती केली आसा.

प्रत्यक्ष घेतिल्ले निजाचे अणभव हेंच लेखकाच्या लेखनाची खरी शक्त आसता. अणभवांक भिडप, जिद्दीन मुखार वचप, निर्भिडपाणान आयिल्ल्या संकश्टांक तोंड दिवप जांकां जमता ते लेखक सदांच हटके आनी उजवें लेखन करतात. 'खंयचोच अणभव आयुश्यांतल्यान काडून उडोवं नजं.' अशें मत सैल मांडटात.

'युग–सांवार' कादंबरी म्हणल्यार नवनिर्मिती अशें लेखक सांगता. तातूंत चित्रायिल्ल्यो घटना आनी प्रसंग हे आयकल्ले, वाचिल्ले आनी कल्पनेंतल्यान वास्तवरुपांत साकार केल्ले आसात. 'पुराय काल्पनीक अशें कांय नासता.' अशें सैल हांचें मत आसा. म्हजी आवय मेल्ल्याचें म्हाका दुख्ख जालां. हें दुख्ख दुसऱ्याचें म्हणून लेखक आपले साहित्यकृतींत चित्रायता. हो एक समांतर अणभव आसून लेखक अशे तरेन आपल्याक आयिल्ले असंख्य अणभव कादंबरेंत पात्रांच्या रुपांत मांडटा.

म्हत्वाच्या प्रसंगाचें चित्रण करता. शिकपाची खर इत्सा आनी परिक्षेची फी भरपाक घरांत नाशिल्ले पयशे. अशा वेळार आवय जानकी आनी पूत शिवनाथ हांच्या मनांतली तळमळ हांगा लेखकान चित्रायल्या. हे कथेंतलो शिवनाथ म्हणल्यार भुरगेपणांतलो सैल. तांच्या जिवनांतलीं कांय सत्यां हे कथेंत कलात्मक रितीन मांडल्यांत.

'नवें'(तरंगां) कथेंत 'नवें' करीनासतना घरांत जेवपाक कांयच ना तें पळोवन कथेंतलो शंकर आपल्या शेतांतलें भात रातचेंच लुंवता. भात मळून

घरांत हाडटा आनी आंसडून, कांडून तांदूळ करता. ताची बायल ह्या तांदळांची पेज करता. निदिल्ल्या भुरग्यांक उठोवन वाडटा. आपले आवयक पेज जेवपाक दितकच तीं दोगांय जेवतात. मळून उडयिल्लें तण दुसऱ्या दिसा कोणूय पळयत म्हूणन तें गोठ्यांतल्या माळ्यार लिपोवन दवरता. मागीर आपलें शेत कोणें तरी लुंवून व्हेलें म्हणून मोठ्या मोट्यान गाळी मारतां. हो प्रसंग लेखकाचे जिणेंत प्रत्यक्ष घडिल्लो आसा अशें सैल सांगता. सैलाची आवय कांय दीस रावपाक आपले व्हडले धुवेगर गेल्ली. घरांत सैल एकलोच आशिल्लो. रांदून जेवपाक घरांत तांदूळ नाशिल्ले. शेतां सारकीं पिकपाचीं आशिल्लीं. हे परिस्थितीक तोंड दिवपाक सैलाक वयली कृती करची पडिल्ली.

"मनीसच हो म्हज्या साहित्याचो मापदंड. तांची दुख्खां, संकश्टां, तांचे उमाळे, तळमळे आनी तांचे किडेल्लेंपण हेच म्हज्या कथेचे विशय." (पलतडचें तारू - दोन उतरां) अशें म्हणपी हो लेखक मनश्याक पुजक मानता.

**सैनीकी अणभवांचें गांठवल :**

एके घरवडींतले णव जाण फलटणींत आसप. भारत-चीन झुजाच्यो खबरो. सदानंद हो एकटोच चलो आयकनासतना फलटणींत गेल्ल्यान ताची आई हांगा ताच्या हुसक्यान धरतरेक लागप. शोभाचो घोव शंकर झुजांत मरतकच एक एक तार येत रावप. गांवचे सगळे लोक दुख्खांत बुडप... ह्यो सगळ्यो घडणुको महाबळेश्वर सैलाचो मूळ गांव शेजेबाग माजाळी हांगां एका काळार घडिल्ल्यो. कारण सैल हांचो जल्म 04 ऑगश्ट 1943 वर्सा जालो. हो काळ दुसऱ्या म्हायुद्धाचो. मिलिटरींतल्यान सुटयेक घरा येतकच थंय शेताचें काम आनी मेकळ्या वेळार फकत युद्धाच्यो गजाली चलताल्यो. ह्या सगळ्याचो प्रभाव लेखक सैल हांचेर पडिल्लो. मुखार ते स्वता मिलिटरींत भरती जाले. काळी गंगा हे तांचे पयलेच कादंबरेंत सैनिकी फाटभूंय आशिल्ल्या गजालींचो संदर्भ येवप तशें सभावीकच आसा.

'आवयलें आयकनासतना सदानंद फलटणींत गेला. आवयच्या जिवाक कांच. चेडो वचत सावन अपरुपें सामकें बरगलां. कांट्याकच जीव घेवन आसा.' (काळी गंगा : पा.12-13) असो उल्लेख वयले कादंबरेंत आयला. हो उल्लेख सैल हांच्या वास्तव जिवना कडेन खूब लागींचो आसा. महाबळेश्वर सैल हो अपुरबायेचो एकलोच पूत. सैन्यांत भरती जाल्लो आपलो घरकार, कांय वर्सां ना जावप, तशेंच गांवांतल्या हेर व्यक्तिचें जिवन आनी मर्णांय तिणें लागींच्यान पळयिल्लीं. घरांत आनीक कोण नाशिल्ल्यान आवय म्हालकूम हिका आपलो पूत सैल सैन्यांत भरती जाल्लो नाका आशिल्लो. घरचें काम करून ताणें आपलें पोट भरचें अशी तिची आंतरीक इत्सा आशिल्ली. अशें आसतना 30 जानेवारी 1961 हे दिसा आपल्या वयाच्या सतराव्या वर्सा सैल घरांतल्यान पळून वचून फौजेंत भरती जाल्लो.

लेखक आपल्या साहित्यांतल्यान आपले अणभव मांडपाची संद घेता. हें आंतरीक जाणिवेंतल्यान लेखकाच्या हातांतल्यान घडटा. साहित्य कृतींतलें एकादें पात्र आपल्या जिवन साधनेकडेन मिळतें जुळतें आसल्यार ती व्यक्तिरेखा तो कालात्मक रितीन उबी करता.

सैनीकी अणभवां संदर्भांत बरयतना सैल म्हणटात, "फौजेंतल्या सातच वर्सांच्या काळांत हांवें कितें अणभवलें ना! दार्जिलिंग लागिसल्ल्या बर्फाळ वाठारांत हांव रावन आयलों. राजस्थानच्या

रेंवटांत सामक्को पाकिस्तानाच्या सरादेलागीं स म्हैने उल्लों. एक वर्साखातीर शांतिसैनीक म्हण इजिप्त-इस्त्राईल सरादेर रावन आयलों. पासश्टच्या इंडो-पाक झुंजांत हांव फिरोजपूर लागीसर हुसेनवाला सेक्टरांत आशिल्लों.'' (पलतडचें तारूं - दोन उतरां) ह्या अणभवांच्या नाड्यार तांच्यानी साबार कथा बरयल्यो. ते आपले अणभव आपल्या कादंबऱ्यानी मांडले. 'एक सोपिल्लें झूंज', 'बळी' (पलतडचें तारूं); 'शेणिल्लें मर्ण', 'तूं पर्थो कसो आयलो?' (तरंगां); 'बायनेट फायटींग' (बायनेट फायटींग); 'हरीहर', 'कॅप्टन सतीश श्रीनागेश' (दोन मुळांचें झाड); सुभेदार (कुळागर, जून-1983); तेंगशो (बिम्ब, आगस्ट-2004); फारपेट (कोंकण टायम्स, एप्रील-2006) आनी हेर कांय कथा सैनीकी जिवनाचेर आदारिल्ल्यो आसात.

'माती आनी मळब' ही कादंबरी लेखक सैल हांच्या जिणेअणभवांचेर अचूक बोट दवरता. आपलो घराबो आनी समाज हाच्या भोंवतणची तत्कालीन परिस्थिती ते हांगां मांडटात. हे कादंबरेंत शेवटाक मिलीटरींत भरती जावपाच्या वेळा वयले अणभव कथन करतना लेखक म्हणटा, ''सोल्जार बोर्डाच्या मैदानार शेंबरेक उमेदवारांची मोटी लांबच्या लांब लायन लागिल्ली आसली. वयले कपडे देंवोवन उक्ते जावन हड्डें फुलोवन सगळे उबे आसले. एक दोन तीन पारी करून बेळगांवच्यान येयल्ल्या अंमलदारान मानवल्ल्या चाळीशेक उमेदवारांक वेगळे काडले. म्हज्या कपलार कितें बरयल्लें आसलें, हांव तेंका कित्याक मानवलों तें नकळं. पयल्या पारीतच तेणीं म्हाकां वेंचून काडलें.'' (पान- 324)

कोंकणी साहित्यिकां मदीं फौजेंतले अणभव घेतिल्ले सैल हे एकमेव साहित्यीक. सैनीकी पेशांत वावर करताना तांकां विवीध पांवड्यार असंख्य अणभव वाट्याक आयले. ते अणभव कलात्मक रितीन तांच्यानी आपल्या कथनात्मक साहित्यांत मांडल्यात. हें सगळें वाचतकच तांच्या अणभवांची तिव्रता लक्षांत येता.

'महेश्वरालो बापूय नापत्तो जालो तेन्ना एका फाटोफाट तीन तारो. गांवाचेर हावळ.' (काळी गंगा : पान-13) हो संदर्भूय सैल हांच्या घराण्या कडेन निगडीत आसा. सैल हांचो बापूय 'दत्ता' पयल्या संवसारीक झुजांत वांटेकार जाल्लो. त्या वेळार तो जिब्राल्टार ह्या प्रांतांतल्या एका भायल्या गांवांत पाविल्लो. ते वेळार तो 1916 ते 1918 ह्या काळांत सुमार साडेतीन वर्सां बेपत्ता आशिल्लो. हे घडणुकेक लागून लेखकाचे आवयक खूब त्रासांचें जिवन जगचें पडिल्लें. हांगा सदानंद आनी महेश्वर अश्या दोन वेगेळ्यावेगळ्या पात्रांच्या माध्यमांतल्यान लेखक आपल्या जिवनअणभवांक लागींच्यान स्पर्श करता. 'महेश्वर' हें महाबळेश्वर सैल हांचेंच टोपणनांव.

मंजूळाचो घोव श्रीधर हाचो कोर्टमार्शल संदर्भ (काळी गंगा : पान-155) आयला. 1961 वर्सा सैल फौजेंत भितर सरिल्ले त्या वेळार बेळगांव मराठा रेजिमँण्टाच्या प्रशिक्षण केंद्रांत आसतना कोर्टमार्शल म्हणजे कितें आसता तें सैल हांणी लागींच्यान पळयिल्लें. ताच्यो स्मृतीं मनांत आशिल्ल्यान सहज तरेन तें कादंबरेंत उतरून आयलां.

मिलिटरींतली नोकरी सोडले उपरांत सैल हांचें शालीनी नाईक, हुळगा हिचे कडेन 06 जून 1966 हे दिसा लग्न जालें. सैलाचे मांव बाबू नाईक येल्लापूर रानांत फॉरेस्टर आशिल्लो. ताचे सांगणेन सैल आपले बायलेक घेवन येल्लापूराक गेले. 30 सप्टेंबर 1966 ते 14 मार्च 1967 ह्या काळांत सैलान पोल व्हूड कंपनींत निरिक्षक म्हणून तात्पुर्ती नोकरी धरिल्ली. हांगां काम करताना ह्या रानवाठारांत राबित्याच्या

थळार सैलाक आयिल्ले अणभव 'ललितव्वा' (काळी गंगा : पान– 49–51) ह्या पात्रांच्या रुपान कादंबरेंत मांडल्यात.

सैल येल्लापूरच्या रानांतल्या भोंवला. तें तांच्यानी लागींच्यान अणभवलां. ह्या अणभवांची व्हडली एक देण म्हणल्यार तांच्यानी बरयल्ल्यो 'अदृश्ट' आनी 'अरण्यकांड' ह्यो नवलीका. पयलेंत फॉरेश्ट ऑफिसराच्या जिवन संघर्शाचेर भाश्य करता जाल्यार दुसरी रानांत शेणिल्ल्या कश्टाळू कामगार वर्गाची काळीजस्पर्शी आनी जिवघेणी व्यथा सांगता. ह्या दोनूय नवलिकांत चित्रीत केल्लो रानप्रदेश आनी तातूंतल्या व्यक्तिरेखांची आंतरीक घालमेल ही लेखकाच्या तत्कालीन अणभवसंपन्न जिविताचो परिपाक.

साहित्यांत जें कितें पडबिंबीत जाल्लें आसता तें लेखकाच्या मना–काळजांत अणभवाच्या रुपांत खंय तरी लिपिल्लें आसता. मरणांय अशींच, लेखकाच्या खोल यादींचो तो एक पुंजो आसता. हीं मरणां काळजांत घर करून रावतात. सैलान आपल्या घराब्यांतलीं जायतीं मरणां लागींच्यान अणभवल्यांत. लेखक चवदा वर्सां इकरा म्हयन्यांचे आसतना तांचो बापूय भायर पडलो. महाराष्ट्र रिजर्व पुलिशेंत आशिल्लो भिकू सैल हो तांचो बापोलभाव पिरायेच्या 21 वर्सांचेर भायर पडिल्लो. आवय भायर पडिल्ली त्या वेळार सैल 21 वर्सां 10 म्हयन्याचे आशिल्ले. सैलाचो व्हडलो भाव ताचो जल्म जाला त्याच वर्सा भायर पडिल्लो. लेखक घरच्या मरणां विशीं बरयतना म्हणटा : 'ह्या वर्साक म्हजीं तिगां मोगाचीं मनशां अवघ्या चाळीस दिसांत सोंपलीं. तेवीस जुलयक एक भयण, दोन आगश्टाक दुसरी भयण आनी तीन सप्टेंबराक भावोजी! खूब लागींचीं मोगाचीं हीं मनशां! तांच्या मरणान म्हज्या काळजाचीं मुळां उसविल्ले वरी जाल्यांत.' (हारसो आनी कंवच्यो, सुनापरान्त– 28 सप्टेंबर 1993)

वयल्या कांय देखींतल्यान सैलाच्या कादंबऱ्यांनी पडबिंबीत जाल्ल्या समाजजिवनाचो नियाळ घेतला. कादंबरी ही समकालीन समाजवास्तव चित्रीत करपी एक म्हत्वाचो साहित्यप्रकार आसून सामाजीक दस्तऐवजाची ती पुंजी आसा. तत्कालीन समाजजिवनाचो एक धांवतो पट अशी कादंबरी आमचे मुखार दवरता. ताच्या अनुशंगान समाजवैशिश्ट्यांची एक दीर्घ वळेरी अभ्यासा खातीर उपलब्ध जाता.

आपलें जिवन घडोवपांत सैल हाणें खूब कश्ट काडल्यात. जिवन संघर्शाच्या ह्या चक्रांत जायतीं दुख्खां ताणें झेल्ल्यांत. आडवें पडिल्लें जिवन परत उबें केलां. जायत्या फावटीं सैलान मरणाचेर जैत जोडलां. 'दर एका अणभवाक हांवें मोल चुकयलां कांयच सोंपेपणान मेळिल्लें ना. जिणेंतल्या अणभवान म्हजे कडच्यान दयामाया धरिनासतना चडच मोल वसूल करून घेतलां म्हटल्यार जाता.' (हारसो आनी कंवच्यो, सुनापरान्त– 6 एप्रील 1993) जिद्द, चिकाटी आनी कश्ट होच जिणेचो मंत्र जाल्ल्यानूच सैल हे एक व्हड लेखक जावंक पावल्यात. कारण जिणेंतले कोडू अणभव हेंच ताच्या लेखनाचें सामर्थ्य.

सैल हे एक बुद्धीनिश्ठ मनीस. आपले बुद्धीक पट्टा तें ते मानतात. अंधश्रद्धे पसून सदांच पयस रावपी सैल देवाक मानतात पूण देवधर्म घेवन बसनात. देंवचार, भूत आनी मनाचे कक्षे भायल्या गजालींचेर तांचो विस्वास ना. मनशान खोटें उलोवचें न्हय. धोंगी मनशाचो तांकां राग येता. सौंदर्याची प्रचंड ओड आशिल्ले सैल सैमा विशीं तांच्या काळजांत सदांच आपलेंपण आसता. बायलेचो मान राखतना तिच्या दुख्खा विशीं ते भावूकतायेन पळयतात. दादल्या मनशान तिका समजून घेतली जाल्यारूच

बायल सुखान जगपाक पावतली अशें तांचें मत आसा. साहित्यांतूय होच जिवनदृश्टीकोण ते मांडीत आयल्यात.

'म्हज्या साहित्याच्या माध्यमांतल्यान मनशाचे वागणुकेच्या मुळांत वच्चेलो यत्न करतां. एखादे आस्तेचें कीर्ण दिसतलें म्हण धडपडटां. हे धडपडींतच जिवीत सोंपल्यार हांव मर मेरेन जियेलों हें समाधान तरी आसतलें.' (हारसो आनी कंवच्यो, सुनापरान्त- 29 सप्टेंबर 1992) हें मनोगत आसा लेखक महाबळेश्वर सैल हांचें. सैल हांच्या घरांत लेखनाची आनी वाचनाची कसलीच परंपरा नासतना सैलान स्वतंत्र रुपान आपलो साहित्याच्यो संवसार व्हडा कश्टान उबो केलो.

कोंकणी लेखक पुंडलीक नायक म्हणटा : 'आमच्यो कितल्योश्योच पिळग्यो मोन्यांनी जल्मल्यो आनी मोन्यांनीच मेल्यो. आमचे लिखणेंतल्यान तेच आतां उलोवंक लागल्यात.' सैल हाचे बाबतीत तेंच घडलां. अक्षरशत्रू आशिल्ल्या सैलाच्या पुर्वजांनी आपल्या समाजाच्यो आंतरीक वेदना केन्ना उलोवन दाखयल्यो नात. सैलान मात ती संद घेतली. आपलें समग्र जिवन, तत्कालीन समाजाचें वास्तव चित्रण तांणी आपल्या वाठारा सयत कोंकणी साहित्यांत केलें. सर्वसामान्य शेतांत कश्ट करपी मनीस तांच्या साहित्यांतल्यान अभिव्यक्त जावपाक लागलो. आपलें दुख्ख तो कथन करपाक लागलो.

### समारोप :

मनीस होच आपल्या साहित्याचो मानदंड मानपी सैल हांणी आपल्या साहित्यांत मनशाचीं दुख्खां, संकश्टां, उमाळे, तळमळे वास्तव जिवनाक धरून मांडलां म्हणपाचें आमच्या लक्षांत येता. लेखकाचे अणभव चड दांडगे आसचे पडटात. अणभव जोडप, अणभवांक भिडप, अणभवां कडल्यान अनुभुती कडेन प्रवास करप हें बऱ्या लेखकाचें लक्षण. हजारांनी घटना आनी प्रसंग आमच्या जिवितांक स्पर्श करून वयतात. कांय विस्मृतींत वतात तर कांय अमुर्त रुपान जिवीतभर सांगात करतात. तांकां दुख्ख, वेदना, कश्ट, दगदग, अन्याय, अत्याचार आनी समाजांतल्या विसंगतीची देग फाव जाल्ली आसता.

चिडुल्ल्या पिडीत समाजाचो आवाज साहित्यांत आसपाक जाय हो उद्देश दोळ्यां मुखार दवरून कादंबरी लेखन करपी ज्ञानपीठ जैतिवंत उडिया लेखिका प्रतिभा राय रचना प्रक्रिये संदर्भांत विचार मांडटना सांगता : story will be crystallised after the writer's mind is influenced by an incident of life. Sometimes it may haunt the mind for years. (Sahitya Akademi Quarterly News latter Jan.-Mar. 2013)

लेखक एकादें कथानक जायतीं वर्सां आपले तकलेंत घोळयता. ताका तो विस्मृतींत वचपाक दिना. यादिचे कोठडेंत तो सांबाळून दवरता. असंख्य व्यक्तिरेखांच्या वेगळेंपणाचें तो निरिक्षण करता आनी कथावस्तूच्या माध्यमांतल्यान साहित्यांत तांकां पुनरजिवीत करता. आपल्या कथा आनी कादंबऱ्यानी लेखक महाबळेश्वर सैल हाणी ही किमया सुंदर रितीन करून दाखयल्या.

### संदर्भ :

1. सैल, महाबळेश्वर. *पलतडचें तारूं*, कुळागर प्रकाशन, मडगांव गोंय, 1989.
2. सैल, महाबळेश्वर. *तरंगां*, जाग प्रकाशन, प्रियोळ-म्हाड्डोळ गोंय, जून 1991.
3. सैल, महाबळेश्वर. *''सोबीतकाय''* हारसो आनी *कंवच्यो* (सप्तकी सदर), सुनापरान्त, मडगांव गोंय : गोवा पब्लिकेशन्स प्रा. लि., ता. 28 जानेवारी

1992.
4. सैल, महाबळेश्वर. *"काळजांतली कंवची"* *हारसो आनी कंवच्यो* (सप्तकी सदर), सुनापरान्त, मडगांव गोंय : गोवा पब्लिकेशन्स प्रा. लि., ता. 29 सप्टेंबर 1992.
5. सैल, महाबळेश्वर. *"अणभवाचें मोल"* *हारसो आनी कंवच्यो* (सप्तकी सदर), सुनापरान्त, मडगांव गोंय : गोवा पब्लिकेशन्स प्रा. लि.,ता. 06 एप्रील 1993.
6. सैल, महाबळेश्वर. *"मरणसांवट"* *हारसो आनी कंवच्यो* (सप्तकी सदर), सुनापरान्त, मडगांव गोंय : गोवा पब्लिकेशन्स प्रा. लि.,ता. 28 सप्टेंबर 1993.
7. सैल, महाबळेश्वर. *काळी गंगा*, राजहंस वितरण, 1- मीनाक्षी बिल्डींग, डॉ. व्होल्फांगु मार्ग, पणजी गोंय, 1996.
8. सैल, महाबळेश्वर. *अदृश्ट आनी अरण्यकांड*, जाग प्रकाशन, प्रियोळ म्हाड्डोळ गोंय, डिसेंबर 1997.
9. सैल, महाबळेश्वर. *युग-सांवार*, अस्मिताय प्रतिष्ठान, मडगांव, गोंय-403 602, एप्रील 2004.
10. सैल, महाबळेश्वर. *खोल खोल मुळां*, श्रीदत्त पद्मजा प्रकाशन, श्रीस्थळ, कोणकोण - गोंय, जानेवारी 2005.
11. सैल, महाबळेश्वर. *बायनेट फायटींग*. बिम्ब प्रकाशन, जी. एस. बी. 3, हावसींग बोर्ड कॉलनी, पर्वरी गोंय, फेब्रुवारी 2005.
12. सैल, महाबळेश्वर. *हावठण*, बिम्ब प्रकाशन, 'धर्म लक्ष्मी', सांत लॉरेन्स, आगशी, गोंय- 403 204, जानेवारी 2009.
13. सैल, महाबळेश्वर. *निमणो अश्वत्थामो*, श्रीशैल प्रकाशन, ऋ2, नीलतारा अपार्टमेंट, आर्लें राय, गोंय. ऑक्टोबर 2009.
14. सैल, महाबळेश्वर. *दोन मुळांचें झाड*, श्रीशैल प्रकाशन, आर्लें राय, गोंय- 403 720, 2011
15. Rai, Pratibha. *What Makes Me a Writer?*, Sahitya Akademi (Quarterly News latter), Ed. J. Ponnudurai. Sahitya Akademi, New Delhi, Jan.-Mar. 2013)
16. सैल, महाबळेश्वर. *विखार विळखो*, संजना पब्लिकेशन्स, सांगें गोंय - 403 704, 2016.
17. सैल, महाबळेश्वर. *माती आनी मळब*, संजना पब्लिकेशन्स, सांगें गोंय - 403 704, 2017..

000